*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**भारतीय सांस्कृतिक मंडळाच्या दसरोत्सवाक उपमुख्यमंत्र्याची हाजिरी**

ता. 9 ऑक्टोबर 2019

भारतीय सांस्कृतिक मंडळान काल बोर्डा-मडगांवच्या मल्टिपर्पज हायर सेकंडरीच्या मैदानाचेर आयोजीत दसरोत्सव कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हुण उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत (बाबू) कवळेकर हाजिर आशिल्ले. कार्यक्रमाक विरोधी फुडारी श्री. दिगंबर कामत, आदले आमदार श्री. दामोदर नाईक, उद्देजक श्री. सुमीत सिंग्ला, मंडळाचे अध्यक्ष दिपांकर गुप्ता, सचीव ग्यान पी पांड्ये, भांडारी दया एस चौबे, मल्टिपर्पज हायस्कुलाचे प्राचार्य श्री. गोम्स, कर्नल निर्मल पांड्ये आनी हेर मानेस्तांचीय हाजिरी आशिल्ली.

ह्या वेळार उलयताना उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत (बाबू) कवळेकर हांणी दसरो हो भारत देशात मनोवपात येवपी उत्सवांमदलो एक म्हत्वाचो उत्सव आशिल्ल्याचें सांगून दसरो म्हणजेच विजयादशमीचो उत्सव सत्य आनी बऱ्यां गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या विजयाचे प्रतिक आशिल्ल्याचें तांणी म्हणलें.

श्री. दिगंबर कामत आनी श्री. दामोदर नाईक हांचेय ह्या वेळार उलोवप जालें.

भारतीय सांस्कृतिक मंडळाचे वांगडी श्री. मुकेश पंत हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले जाल्यार श्री. ग्यान पांड्ये हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/675